GVM's DR. DADA VAIDYA COLLEGE OF EDUCATION

NATIONAL CONFERENCE

# TRANSFORMING EDUCATION for the 21ST CENTURY: PROBLEMS & CONCERNS

# SEMINAR COMPENDIUM

13TH MARCH 2020



GVM'S
DR. DADA VAIDYA
COLLEGE OF EDUCATION
FARMAGUDI, PONDA, GOA

POST - GRADUATE DEPARTMENT OF EDUCATION
IN COLLABORATION WITH
RESEARCH CENTER

NATIONAL CONFERENCE

# "TRANSFORMING EDUCATION FOR THE 21ST CENTURY: PROBLEMS AND CONCERNS"

## SEMINAR COMPENDIUM 2020

**Published by :**
GVM'S DR. DADA VAIDYA COLLEGE OF EDUCATION

**Editor In Chief:**
DR. ALLAN J. ABREO
( DEAN, FACULTY OF EDUCATION, GOA UNIVERSITY)

**Editor:**
SANJAYAN T. S. (ASSISTANT PROFESSOR)

**Sub Editors:**
SAISH S. NAYAK DALAL, SIENA FERNANDES

This book is the sole property of GVM's Dr. Dada Vaidya College of Education.
Reprinting or copying of this book is not permitted.

# INDEX


| Sr. No | Content |
|---|---|
| 1 | **Preface** |
| 2 | **Principal's Address** |
| 3 | **National Seminar Report** |
| 4 | **Acknowledgement** |
| 5 | **Social transformation through Education** *Dr. Louis Vernal* |
| 6 | **Flipped Classroom: An Innovative Approach in Education** *Dr. Sushil Kumar* |
| 7 | **INNOVATIVE TEACHING LEARNING PRACTICES** **Dr.Sybila Pius Fernandez** |
| 8 | **A COMPARATIVE STUDY BETWEEN VHSE AND HSE STUDENTS IN THE EXTENSIONOF SKILL DEVELOPMENTWITH SPECIAL REFERENCE TO SCHOOLS IN ALUVA MUNICIPALITY** *Shibna k . Mohammed* |
| 9 | **Enhancing Eco-consciousness among trainee teachers through Environment Education projects in Goa** *Dr. Anna Neena George* |
| 10 | **Quality Of Teacher Education With Special Reference to Goa** *Dr.Jojen Mathew* |
| 11 | **A COMPARATIVE STUDY BETWEEN VHSE AND HSE STUDENTS IN THE EXTENSIONOF SKILL DEVELOPMENTWITH SPECIAL REFERENCE TO SCHOOLS IN ALUVA MUNICIPALITY** *Shibna k . Mohammed, Arjun Mohan* |
| 12 | **EFFECTIVENESS OF MEDITATION AMONG HIGHER SECONDARY STUDENTS** *Afshan Sayed* |
| 13 | **WHY I DO NOT ATTEND A CLASS** *Mr. P G DANDIN* |
| 14 | **Adapting Innovative Teaching Methods In The Field Of Humanities.** *Ms Ayeesha Antao* |
| 15 | **Dissent and Inclusivity in Education in the 21st Century** *Dr. Brian Mendonça* |
| 16 | **Rediscovering the importance of silent introspection in education through various intervention techniques** *Akshada Andre Godinho* |
| | |




ISBN: 978-93-5406-616-0 GVM'S DR. DADA VAIDYA COLLEGE OF EDUCATION

| | |
|---|---|
| 32 | **Positive Psychology: A wheel of change**<br>*Aditi Silveira ,Saeesh Verenkar* |
| 33 | **Looking at Education from a Modern Perspective: a Case Study**<br>*Jagruti Sanjay Patkar* |
| 34 | **DIVERSITY, INCLUSION AND EQUITY- The way forward for effective education**<br>*Lt. Patrick Rajkumar* |
| 35 | **Need For Implementing 'Ancient' Type of Value Education among Present Students**<br>*Miss Siddhi Chandrakant Sangle* |
| 36 | **DEVELOPING INTERVENTION TECHNIQUES TO ENCOURAGE GOOD MANNERISMS AMONGST MIDDLE SCHOOL STUDENTS**<br>*Ninoschka H. Pinto, Akshada A. Godinho and Savia M. M. deSousa* |
| 37 | **GANDHI and NAI TALIM in the 21st CENTURY**<br>*Mrs Sharmila V. Kerkar* |
| 38 | **Inclusion Of Community Based Activities In Secondary Teacher Education Curriculum For Sustainable Development**<br>*Susmita Mondal[1] and Jugantar Mishra [1]* |
| 39 | **Evidence Based Instruction : An Effective Method for Teaching High School Math**<br>*Gazal Aga* |
| 40 | **A STUDY ON IMPACT OF E-LEARNING AMONG COLLEGE STUDENTS WITH SPECIAL REFERENCE TO ERNAKULAM DISTRICT**<br>*Neenu Varghese, Anju Baby* |
| 41 | युवा आत्म-सबलीकरण आणि भारत<br>श्री. संजय गोवेकर |
| 42 | **Cyberphobia And Digital Immigrants: A 20th Century Teacher In 21st Century ICT Classroom**<br>*Samir Naik* |
| 43 | **कोंकणी भाशा अध्यापन पद्दती- एक अभ्यास**<br>**श्री. दर्शन शंकर कांदोळकर** |
| 44 | **Rediscovering the importance of silent introspection in education through various intervention techniques**<br>*Akshada Andre Godinho* |
| 45 | **Reflections on the use of Collaborative Learning Strategies within a Literature Classroom** |





ISBN: 978-93-5406-616-0 GVM'S DR. DADA VAIDYA COLLEGE OF EDUCATION

# कोंकणी भाशा अध्यापन पद्दती- एक अभ्यास

श्री. दर्शन शंकर कांदोळकर
सहायक प्राध्यापक, कोंकणी विभाग, विद्या प्रबोधिनी वाणिज्य, शिक्षण, संगणक आनी वेवस्थापन म्हाविद्यालय, पर्वरी-गोंय
मो.नं:- ८८०६३८७२८९ ई-मेल:-kandolkardarsh@gmail.com

## सारांश

आयचो विद्यार्थी हो क्रियाशील प्राणी. तो सदांच्या वातावरणांत रावन दिसपट्टे अध्यापन पद्दतीक लागून रोखडोच बेजारता. क्रियाशील आशिल्ल्या कारणान कितें तरी नवें आनी वेगळे पद्दतीन ताका शिकपाचें आसता . हो सोद प्रपत्र अश्याच तरेच्या अभ्यास पद्दतीचेर उजवाड घालता. कांय नव्यो पद्दती तशेंच कांय चालंत आशिल्ल्या अध्यापन पद्दती भितर बदल करून आनी विद्यार्थ्यांची अध्ययन करपाची क्षमता मर्तींत दवरून कशे तरेन प्रभावी अध्यापन करूं येता हाचेर अभ्यासकान भर दिला.

## प्रस्तावना

कोंकणी भाशेचो अभ्यास करपाचें कार्य दिसान दीस वाडत आसा आनी हाचो स्पश्ट पुरावो म्हळ्यार कोंकणींत वेगवेगळ्या विशयाचेर आयोजीत कार्यशाळा, कृतीसत्रां आनी तातूंत सादर जाल्लीं प्रपत्रां तशेंच पी.एच्.डी.'चोय आंकडो वाडत आसा. तसोच दर वर्सा कोंकणी साहित्यांत धा तरी नव्या पुस्तकांचीं भर पडत आसा. साहित्य निर्मणे बरोबर विद्यार्थ्यांनी लेगीत वाचन करपाक जाय आनी ते खातीर अध्यापन प्रभावी करून विद्यार्थ्यांक त्या भाशेची गोडी लागप म्हत्वाची. ही गोडी लावपाचें काम त्या भाशेच्या शिक्षकाचें देखून तांणी त्या चालंत अध्यापन पद्दती बरोबर नव्या अध्यापन पद्दतींचोय वापर करपाक जाय. जाचे वरवीं भाशेची उदरगत तर जातलीच पूण तेच बरोबर वाचक वर्ग लेगीत अध्ययन करपाक रस घेतले.

## कोंकणी भाशेचें म्हत्व

खंयच्याय भाशेच्या अभ्यासावरवीं त्या राज्याची उदरगत जाता. कोंकणीचो अभ्यास केल्यार कोंकणी उलोवपी राज्यांक फायदो नक्कीच जातलो कित्याकतर अध्ययना बरोबर विद्यार्थी दर दिसाच्या वेव्हारांत कोंकणीचो उपेग करतले तशेंच राजवेव्हार आनी बेरतेन जावपाक लागतलो देखून भाशेचो अभ्यास वेगवेगळ्या पद्दतीनी जावपाक जाय जाल्यारुच विद्यार्थी अध्ययनांत रस घेतले. आपल्या बुद्दीचो वापर करून नवे विचार, संकल्पना मांडटले आनी ह्या सगल्यां वरवीं भाशेचो दर्जो वाडटलो आनी हेंच कोंकणी भाशेचें म्हत्व जावन आसा.

## उद्देश

हें प्रपत्र कोंकणी भाशेच्या अध्यापनांत वेगवेगळ्यो अध्यापन पद्दती नमूद करून ताचो वापर आमी कसो करूं येता हाचेर भर दिता. सदर प्रपत्र बरोवपी शिक्षकाक पांच वर्सांचो अध्यापन अणभव आसा. दर दिसा दिसाळ्यांचें वाचन करपाक लावप, भाशीक कौशल्य दोश सुदारपाक वेगवेगळ्या कृतीचें आयोजन करप जाचेवरवीं भुरग्याचें साहित्यीक गिन्यान वाडटले आनी भाशेचेर प्रभुत्व येतलें.

वर्गांत अध्यापन करता आसतना ज्या वेगवेगळ्या पद्दतींचो अवलंब करूं येता, त्यो सकयल विस्तारान नमूद केल्यात. जाचो उपेग जर खंयच्याय शिक्षकान आपूण अध्यापन करता आसतना केलो जाल्यार ताचें अध्यापन प्रभावी आनी परिणामकारक जातलें.

### वर्गा भायर अध्यापन

सदचें अध्यापन वर्गांत जाता पूण जर विशयाच्या मागण्या प्रमाण जर कांय तासिका वर्गा भायर मेकळ्या वातावरणांत घेतल्यो जाल्यार ताचो बरो परिणाम विद्यार्थ्यांच्या अध्ययनाचेर जातलो. देखीक- पांचवेच्या कोंकणी पाठ्यपुस्तकांत पर्यावरण पाठ जर सैमाच्या सानिध्यांत शिकयलो जाल्यार विद्यार्थ्यांक जें शिकयलां ताचें आकलन रोखडेंच जातलें . ह्या पद्दतीवरवीं विद्यार्थ्यांची निर्शेवणी पयस जावन विद्यार्थी उत्साहान शिकपाक लागतात.

### स्मार्ट बॉर्ड

जायत्या जाणांक असो प्रस्न पडटा- भाशेच्या अध्यापनांत स्मार्ट-बॉर्डाचो वापर कसो म्हूण करूं येता. स्मार्ट-बॉडाचो वापर फक्त वाणिज्य आनी अर्थशास्त्र विभाग करता असो सगळ्यांचो समज जाल्लो दिश्टी पडटा. पूण हो विचार आयज पोरणो जाल्लो दिश्टी पडटा. भाशा अध्यापनांत स्मार्ट-बॉर्डाचो वापर वेगवेगळे पध्दतीन करूं येता. तो असो:-

अ. पाठांत आयिल्ले शब्दार्थ, म्हणी, वाक्प्रचार स्मार्ट-बॉर्डाचेर बरोवपाक.
आ. भाशीक खेळ खेळपाक – देखीक- जोडयो जुळयात, शब्दकूट, उतरकूट.
इ. पाठांत आयिल्ले म्हत्वाचे मुद्दे नमूद करपाक.
ई. एखाद्रया विद्यार्थ्याक जर एक अक्षर, उतर, उच्चारपाक वा बरोवपाक येना जाल्यार ताका तें स्मार्ट-बॉडावेल्यान परत परत वाचून वा बरोवन लावन वाचन-उच्चारण दोश सुदारपाक मेळटा.

### सहकार्य पद्दत

मनीस हो एक समाजीक प्राणी. तो दुसऱ्याच्या आदाराबगर जगपाक शकना. ताका लागून समाज ही संकल्पना अस्तित्वांत आयली. एकामेकाचो आदार घेवप हो मनशांचो स्वभाव. हो सहकार्याचो गूण विद्यार्थ्यां मदीं तयार जावंचो देखून विद्यार्थ्यांक वेगवेगळे स्वाध्याय, प्रकल्प दिवन दोन वा चार विद्यार्थ्यांचो पंगड करून अभ्यास


ISBN: 978-93-5406-616-0 GVM'S DR. DADA VAIDYA COLLEGE OF EDUCATION

करपाक लावपाक जाय. तातूंतल्यान दोन म्हत्वाचे फायदे तांकां जातले. एक म्हळ्यार स्वता रुची घेवन अभ्यास केल्ल्यान तांकां तो विशय बरे तरेन समजतलो, तशेंच दुसऱ्या बरोबर कशें काम करप, विचारांनी वा मतांनी जें वेगळेपण येता तें कशें सांबाळून अभ्यासाचो प्रवास सुरळीत करप हाचे बरोबर हेर नेम विद्यार्थी शिकतात.

### काणयेवरवीं अध्यापन

ल्हान आसतना सगळ्यांकूच काणयो आयकुपाक आवडटात आनी ह्या काणयांवरवीं एक देख दिवन शिटूक करपाचो यत्न जाणटेले करताले. व्हड जातकच ह्योच काणयो जिविताचे वाटेर आडखळटाना तांकां मदत करता. कित्याकतर काणयेवरवीं शिकिल्ली खंयचीच गजाल आमी सहज विसरनात. अध्यापन पद्दती भितर जर ह्या पद्दतीचो आमी अवलंब केलो जाल्यार विद्यार्थी उबगना. हेंच दिसपट्टें अध्यापना पद्दतीन तांकां अपेक्षीत आसता. कठीण विशयाची सुरवात जर काणयेवरवीं जायत जाल्यार विद्यार्थी कान दिवन आयकतले. ताचें आकलन तांकां जातलें आनी एक गंभीर विशय शिकला ही भावना लेगीत तांच्या मनांत निर्माण जावंची ना.

**व्युत्पत्ती** ह्या शिकोवपाच्या पद्दतीचो उपेग महाविद्यालयीन वा विद्यापीठ पांवड्याचेर मुखेलपणान करूं येता. अश्या तरेच्या पद्दतीन पाठ्यपुस्तकांत शिकयता आसतना एखाद्रें कठीण उतर वा शब्द मेळटा जाल्यार ताची व्युपत्ती सोदप जाता म्हळ्यार शिक्षक फक्त तांकां खंय आनी कसो सोदप हाचो आदार दिता जाल्यार विद्यार्थी शब्दकोशाचो वापर करून त्या शब्दाचो अर्थ वा त्या शब्दा फाटली काणी सोदून काडटा. अशे तरेन जेन्ना स्वता विद्यार्थी सोदपाचें काम करता तेन्ना तांच्या मतींत तें घट्ट उरता आनी ताच्या शब्द भांडारांत उतरां वाडत रावतात. म्हणटीकच भाशेचें गिन्यान वाडटा.

### चिंतन - एक पावल मुखार

ह्या पद्दतीवरवीं शिक्षक विद्यार्थ्यांक शाळेच्या तासां उपरांत अभ्यास भोंवडेक व्हरता जशें- देवळांनी, वस्तुसंग्रहालयांत, वाचपघरांत, आदी . ही अभ्यास भोंवडी विद्यार्थ्यांच्या पाठ्यक्रमा कडेन संबंदीत आसता आनी ताचे विशीं खोलायेन म्हायती मेळपाची ही एक सुंदर संद. विद्यार्थ्यांक प्रत्यक्ष वस्तु हाडून वा थंय व्हरून दाखयल्यार ते रोखडेच शिकतात अशें म्हण्टात. तेच परी हांगासर शिक्षक तांकां त्या पाठाच्या विशयाविशीं अदीक म्हायती दिता आनी तांच्या मनांत जे प्रस्न तयार जातात ताचें निरसन वर्गांत भासाभास करून जाता.

### क्लाउड कम्प्युटिंग

ही एक वेगळी अशी पद्दत जातूंत दर एका वर्गांत एक संगणक आसता आनी शिक्षक ताचो उपेग पाठ शिकयता आसतना दृक साधनां, श्राव्य साधनां वा दृक-श्राव्य साधनां दाखोवपा पासत करून अध्यापन प्रभावी करता. हीं सगळीं चित्रां, ओडियो, व्हिडियो संगणकाचेर ऑनलाईन काल्वडाचेर दवरिल्ली आसतात . जी खंयच्याय विद्यार्थ्यांक घरा बशिल्ले कडेन सहज उपलब्ध आसतात . जर घराकडेन शिकता आसतना विद्यार्थ्यांक कसलीय आडखळ येता वा ताका उतर याद येना जाल्यार तो ऑनलाईन वचून जें चुकलां वा याद जायना तें याद करता. तसोच जर विद्यार्थी शाळेक वचूंक ना जाल्यार ताका लेगीत हाचो फायदो जाता आनी म्हत्वाचें म्हळ्यार शाळेंत जड पुस्तकां व्हरपाची पासून गरज आसना.

### जें शिकयता ताचेर मोग करात.

मनापासून जर खंयचेंय काम करत जाल्यार तातूंत सदांच यश मेळटा. अध्यापन करतना पासून हो नेम ज्युस्त लागू जाता. शिक्षकान लेगीत शिकयता आसतना आपूण जें शिकयता ताचेर ताणें मोग करूंक जाय. तुमकां जर विशय आवडटा जाल्यारूच तुमच्या शिकोवपांत त्या विशयावयलो मोग दिश्टी पडटलो आनी विद्यार्थी लेगीत रस घेवन शिकपाक लागताले. तुमी तुमचे 100 टक्के दिवप म्हळ्यार तुमी शांत मनान शिकयतले, खंयच गडबड जावंची ना आनी तुमच्या मतींत नवे नवे विचार येवपाक लागतले जाचो फायदो विद्यार्थ्यांक जातलो.

### हेर पद्दती अश्यो आसात.

१. दर दिसा विद्यार्थ्यांकडल्यान फळयाचेर सुविचार बरोवन घेवप. अशे पद्दतींत नवे आनी बरे विचार तांच्या मतींत येतले.
२. शिक्षकान दर दिसा दिसाळ्यांतलो वा नेमाळ्यांतलो एक लेख वाचून दाखोवंचो वा वाचून घेवंचो जातूंतल्यान विद्यार्थ्यांक एक नव्या विशया विशीं दर दिसा थोडी थोडी म्हायती मेळटली.
३. एक उतर दर दिसा शिकल्यार. ताच्या शब्द संपदेंत वाड जातली.
४. सुलेखन सर्तीं घडोवन हाडप. जातूंतल्यान सुंदर अक्षर विद्यार्थी काडपाक लागतलो
५. दर तीन म्हयन्यांनी वर्गांत वकृत्त्व सर्त घडोवन हाडप. जातूंतल्यान विद्यार्थ्यां भितर उलोवपाचो आत्मविश्वास निर्माण जातलो.
६. दर म्हयन्यांक एक विशय घेवन विद्यार्थ्यांक एक वण्टीपत्रक करपाक लावप. अशे पद्दतींत 12 म्हयन्यांक 12 वण्टीपत्रकां तयार जावन विद्यार्थ्यांच्या गिन्यानांत भर पडटली.

### संदर्भ

१. लंवदे, प्रा. वसंत गोविंद, कोंकणी भाशेचें अध्यापन, गोवा कोंकणी अकादेमी,१९९५.
२. धारवटकार, शरद, कोंकणीचें अध्यापन, गोवा कोंकणी अकादेमी, 2016
३. Siddiqui Hasan, Mujibul,Techniques of Teaching Strategies,A P H Publishing Corporation,2017.
४. Mowla, Dr Shaik, Techniques of Teaching English, Neelkamal Publications Pvt .LTD,New delhi,2013
५. https://www.edsys.in/innovative-science-teaching-methods/.
६. https://www.edsys.in/16-innovative-ideas-make-teaching-methods-effective/



ISBN: 978-93-5406-616-0 GVM'S DR. DADA VAIDYA COLLEGE OF EDUCATION